Panaji

प्रादेशिक खबरो

०२०९२०२५ @ ७.20 pm

1 केंद्रिय जलशक्ती मंत्रालय, तशेंच पिवपाच्या उदकाचे आनी स्वच्छतेचे खाते हांच्या जोड पालवान दिल्ली भारत मंडपम हांगा स्वच्छ भारत उपक्रमावरवी round table conference चे आयोजन केल्ले

२ चोरयेक गेल्ले सुमार 50 मोबायल फोन सोदुन पुलिस म्हासंचालक के. आर चौरासिया हांच्य हस्तुकी मोबायलाच्या मुळ धनयांक दिवपाची कार्यावळ पणजे पुलिस मुख्यालयात आयज जाली

3 भारत सरकाराचे दूरसंचार खातें फाल्या 3 सप्टेंबराक दक्षिण गोंयात मोबोर हांगा अस्तंत विभागाची एक दीसाची वर्सुकी सुरक्षा परिशद घडोवन हाडटा.

4 युवकांनी शेती उत्पादनाखातीर फुडाकार घेतल्यार बेरोजगारीचो प्रस्न निश्चितच सुटू येता अशे आदिवासी कल्याण मंत्री रमेश तवडकार हांणी म्हणला

केंद्रिय जलशक्ती मंत्रालय, तशेंच पिवपाच्या उदकाचे आनी स्वच्छतेचे खाते हांच्या जोड पालवान दिल्ली भारत मंडपम हांगा स्वच्छ भारत उपक्रमावरवी round table conference चे आयोजन केल्ले. गोंय राज्याचे पंचायत मंत्री माविन गुदिन्हो हांणी गोंय सरकारावतीन वतीन ह्या परीशदेत वाटो घेतिल्लो. स्वच्छ भारत उपक्रमावरवी ओ.डी.एफ मुक्त गांव वा शार, तशेंच, ग्रे-वॉटर वेवस्थापन आनी घन कोयर वेवस्थापन, शेणाचो बायोगॅस प्लांट उबारुन उर्जेचो स्त्रोत तयार करप हे विंशी ह्यावेळार चर्चा जाली. ह्या पीरशदेत देशातल्या केंद्र शासीत प्रदेश तशेंच वेगेवगळया राज्यातले मंत्री, मुखेल सचिव , तशेंच खाते प्रमुखांनी वाटो घेतिल्लो. केंद्रिय जल मंत्री सी. आर पाटील हांणी ह्यावेळार कोयरा पासुन उर्जा निर्मिती,तशेच नाविन्याच्या जोडपालवान स्वच्छतेक महत्व दिवपी उपक्रम चालीक लावचे अशे आवाहान केला. सैमिक स्त्रोतातल्यान मेळपी उदकाची जपणूक , योग्य उपेग, तशेचं प्रत्येक घराक नळ जोडणी, दिवन बरी भलाकी सेवा दिवन देशाक एक सशक्त पिळगी तयार करता अशे मंत्री पाटील हांणी म्हणला. पावसाच्या उदकाची साठवणुक आनी ह्या उदकाचो उपेग करपाचे उपक्रम राज्य सरकारानी चालीक लावचे अशेय तांणी म्हळा.

पणजी, कळंगूट, आनी हणजुण वाठारात सगळयात चड मोबायल चोरी जातात.हांतून गोंयांत येवपी पर्यटक तशेंच गोंयकारांच्या मोबायल फोनाचो आसपाव आसा अशी म्हायती उत्तर गोंय पुलीस अधिक्षक राहुल गुप्ता हांणी दील्या.चोरयेक गेल्ले सुमार 50 मोबायल फोन सोदुन काडपाक पुलिशेक येस आयला. हे सापडिल्ले मोबायल पुलिस म्हासंचालक के. आर चौरासिया हांच्य हस्तुकी मोबायलाच्या मुळ धनयांक दिवपाची कार्यावळ पणजे पुलिस मुख्यालयात आयज जाली.२०२३-२०२४ वर्सात आनी चालु वर्सात फाटल्या आठ म्हयन्यात चोरयेक गेल्लया मोबायल फोनांचो आसपाव आसा.

मोबायल चोरी जायत जाल्यार तक्रारदारांन ताचे विशी telecommunication department of india च्या संचार सारथी पोर्टलाचेंर वचुन CEIR ह्या ह्या यंत्रणेचेर कागाळ नोंद करची अशे ह्यावेळार राहुल गुप्ता हांणी म्हणला. जाल्यार सवाय मेळटा म्हण सेकेण्ड हेण्ड मोबायल घेवपाचे टाळचे. चोरी केल्ले फोन आसुंक शकता अशे पुलिस म्हासंचालक के. आर चौरासिया हांणी म्हणला. ह्यानफुडे लेगीत चोरयेक गेल्ले मोबायल सोदुन काडपाची मोहिम खरसाणीन सुरु उरतली अशी म्हायती तांणी दिल्या.

भारत सरकाराचे दूरसंचार खातें फाल्या 3 सप्टेंबराक दक्षिण गोंयात मोबोर हांगा अस्तंत विभागाची एक दीसाची वर्सुकी सुरक्षा परिशद घडोवन हाडटा. हे परिशदेंत महाराष्ट्र, गुजरात, मध्य प्रदेश, छत्तीसगड, राजस्थान, गोंय, दादरा-नगर-हवेली आनी दमन आनी दीव ह्या राज्यांतले आनी केंद्र शासित प्रदेशातले दूरसंचार खात्याचे सुरक्षा यंत्रणा अधिकारी तशेंच केंद्रीय आनी राज्यस्तरीय कायदो अंमलबजावणी संस्था आनी दूरसंचार सेवा पुरवणदार हाजीर आसतले. टेलीकॉम नेटवर्क इंटेलिजेंसचे वाढते महत्व आणि कायदो अंमलबजावणी आनी सुरक्षा यंत्रणे वरवीं दूरसंचार आणि सायबर समन्वयाच्या साधनांचो प्रभावी वापर आदि संयत उदयोन्मुख सुरक्षा बाबींचेर ह्या परिषदेत लक्ष केंद्रित करतले

२०२४/२५ वर्सांचे राज्य शिक्षक पुरस्कार जाहीर जाल्यात. आयज जाहीर केल्ल्या 'मुख्यमंत्री वशिष्ठ गुरू ' पुरस्कारां खातीर प्राथमीक ते उच्च माध्यमीक मेरेनच्या धा शिक्षकांची नावांची घोशणा जाल्या. उत्तर गोंय - प्राथमीक शिक्षिका छाया वैजनाथ बोकडे, दक्षिण गोंय - प्राथमीक शिक्षक कमलाकर विश्वास देसाय, खाशेल्या भुरग्यां खातीर ची शिक्षिका मंजीरी दत्तप्रसाद जोग,

उत्तर गोंय - कला शिक्षक राजमोहन रामनाथ शेट्ये, आनी कालिदास सातार्डेकर , माध्यमीक शिक्षक ममता तातोबा पाटील. हायस्कुल मुख्याध्यापक विभागांत उत्तर गोंयचे ज्ञान प्रसारक विद्यालय म्हापसा शाळेचे प्राचार्य गुरुदास पालकर आनी रोझरी हायस्कुलाचे मुख्याध्यापिका अरोरा डिसूजा हांका फावो जाला. उच्च माध्यमिक शिक्षक वर्गांत सुनील जगन्नाथ शेट दीप विहार उच्च माध्यमिक मुरगांव हांका जाल्यार प्राचार्य वर्गांत मारिया बोर्जेस अब्रान्वीस , आरएमएस उच्च माध्यमिक शाळा, मडगांव हांका सिएम गुरु वशिष्ठ पुरस्कार जाहीर जाला. ६४ वो शिक्षक दिस सुवाळो ५ सप्टेंबराक सकाळीं ११ वरांचेर कला अकादमी सभाघरात जातलो. मुखेलमंत्र्यांच्या हस्तुकी पुरस्कार वितरण जातले.

आदिवासी कल्याण मंत्री रमेश तवडकार हांणी मडगांवां ‘आदि कर्म योगी  अभियान’ या येवजणेखाला सुरु केल्ल्या चार दिसांच्या कार्यशाळेचे उक्तावण केले.  गोंयांत आदिवासीची सुमार १ लाख ६० हजार लोकसंख्या असा. तांतलो ५० टक्के समाज स्वत:च्या पायाचेर उबो आसा. गोंयांत अजूनय ५ ते ६ हजार आदिवासी कुटुंबांचो राबित्याचो दर्जो वाडोवपाक जाय. त्याखातीर ह्या कुटुंबामेरेन पावून तांकांय उदरगतीच्या मुखेल धारेत हाडपाखातीर प्रयत्न जावपाक जाय अशें मत तांणी उक्तायलें.

ही कार्यशाळा केंद्रीय आदिवासी वेव्हार मंत्रालयाच्या जोड पालवान गोंयच्या आदिवासी कल्याण खात्यान सध्या चालू अाशिल्ल्या जनजाती गौरव वर्सानिमतान ही कार्यशाळा घडोवन हाडल्या.  ‘आदि कर्म योगी  ह्या येवजणेखाला २० लाख आदिवासी युवकांक मुखार हाडपाचे लक्ष केंद्र सरकारान दवरला.
गोंयांत बेरोजगारी हो चिंता करपासारको विशय न्हय. युवकांनी शेती उत्पादनाखातीर फुडाकार घेतल्यार बेरोजगारीचाे प्रस्न निश्चितच सुटू येता अशे सांगून त्या खातीर आदि कर्मयोगी अभियान हे आदिवासी लाेकांमेरेन जलदगतीन पावपाची गरज आसा ह्या खातीर आदिवासी कल्याण खाते फुडाकार घेता. आदिवासी समाज सक्षम जावचो ह्याखातीर खासा राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू आनी प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हे ह्या येवजणेच्या चलणुकेचेर लक्ष दवरुन आसात अशें तांणी सांगलें.

शस्त्र प्रशिक्षण विभाग आयएनएस हंसा, दाबोळी हांगा  ३ आणि ४ सप्टेंबराक केळशी रेंज भागात लहान शस्त्रांचे गोळीबार प्रशिक्षण कार्यक्रम आयोजित करता. गोळीबार रेंजाचो लागीच्या भागातल्या नागरिकांक आणि मालमत्तेक कसलोच धोको नासतलो. गोळीबाराच्या आवाजान रहिवाशांनी भीयेवन वचचे न्हय  असो सल्लो दिला.  केळशी रेंज कडेच्या  दर्या देगेर वचपाक थळाव्याक मनाय आसा . तसेच नुसतेमारी बोट /मनरिजवन बोटीनी रेंजच्या २ किलो मिटर दर्या देगेच्या भागात बंदी आसा

फाल्यां सावन स स्प्टेंबर मेरेन कांपाला च्या इंडोर स्टेडियमांत आंतर राज्य अस्तंत विभागाची बेडमिंटन सर्त जातली.ही सर्त भारतीय बेडमिंटन म्हासंघाच्या पालवान जातली.सर्तींत छत्तीसगड,गुजरात मध्य प्रदेश,म्हाराष्ट्र आनी गोंय राज्यांतल्या खेळगड्यांचो आस्पाव आसा.३सप्टेंबराक सकाळी साडेणव वरांचेर सर्तीक सुरवात जातली.हे सर्तींत ज्युनीयर चले आनी चलयो,सिनीयर दादले आनि बायलांचे एकोडे,दोटटी तशेंच मिस्र गटांत खेळ जातले.हे सर्तींत राष्ट्रीय आनी आंतरराष्ट्रीय पांवड्यार नामना मेळयल्ले देशी खेळगड्यांचो खेळ पळोवपाक गोंयकारांनी संद मेळटली.ह्या खेळगड्यांमदीं छत्तीसगडाचे रौनक चौहान,तनू चंद्रा,म्हाराष्ट्राचे सर्वेश यादव,देव रूपारेलिया,तारीणी सुरी, दर्शन पुजारी,गुजरातच्यो तस्नीम मीर आनी मध्य प्रदेशाचे यश राईकवार,आदित्यम जोशी,तशेंच ऐश्वर्या मेहता आदी प्रतिभाशक्त खेळगड्यांचो आसपाव आसा.हे सर्तीचे निरिक्षक म्हूण कर्नाटकाचे कार्तीक कामत हांची निवड जाल्या.

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत कमाल तापमान 30. डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर किमान २४. 5 डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला. हवेतली आर्द्रता 90 टक्के आसा. राज्यात फाटल्या २४ वरात पावसाची नोंद 1.२ मिली मीटर जाल्या. फुडले काय दिस व्हडा प्रमाणात पावस पडू येता वारे वराक 30 ते 40 किलो मिटर वेगान व्हावतले ताचो वेग 5 0 किलोमीटर इतलो वाडू येता देखून नुसते मारानी हे काळात खोल दऱ्यांत वचचे न्ही अशे वेधशाळेन कळीत केला

तशेच हवामान खात्यान काय सूचना दिल्यात. ह्या पावसाच्या दिसांनी

दृश्यताय खराब जाव येता, वाहना बंद पडू येतात.रसत्याचेर उदक साठून येरादारीची गचमुडडी जावन परिणामी प्रवास वेळ वाडपाक शकता. झाडा पडप वीज पडप कच्च्या घराचें आनी झोपडयांचें लुकसाण. भूस्खलन/ चिखल अशो घडनुको जाव येता तेना सादुरताय बाळगुची